**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं**

ता. 11 ऑक्टोबर 202

1

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेच्या शुभप्रसंगार हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा हो आमच्या देशांत व्हडा उमेदीन आनी धार्मिक भावनेन मनोवपात येवपी खुप म्हत्वाचो उत्सव आसा. हो उत्सव सद्गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. दुर्गा माता देवीची आराधना भक्तांक भंय, नकारात्मक विचार पयस करपाक आनी शांतीकाय मेळोवपाक मदत करता. इश्वरी देवी विश्वव्यापी माता, सकारात्मक उर्जा, बुध्दी आनी समृध्दीच्या रूपान सगळ्यांमदी वास करता आनी आमी सगळें जाण व्हडा भावार्थान णव दीस देवीची पुजा करतात.

ह्या वर्साचो दुर्गा पुजा उत्सव मनयताना हांव सगळ्यां लोकांक भलायकी आनी सुरक्षेच्या शिश्टाचारांक पाळो दिवपाचो उलो मारता. ह्या वर्साचो दुर्गा पुजा उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत शांतीकाय, भरभराट आनी उत्साह घेवन येव आनी आमच्या सोबीत राज्यांतलो सामाजिक आनी सांस्कृतिक सलोखो आनीक मजबूत जांव, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/841

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji